Panaji regional news

31.oct 2025,7.20pm

170 डा.मनसुख मांडवीया

भारताच्या गावगीऱ्या वाठारापासत मेट्रो शारातल्या खेळगड्यांक माची दीवपाखातीर भारत सरकार काम करता.भारतात खेळ हो फकत खेळ म्हण पळयनित जाल्यार बरू खेळगडी तयार करपाची एक चळवळ भारत सरकारान चालीक लायला अशे केद्रीय खेळा आनी युवा मंत्री डा.मनसुख मांडवीया हांणी म्हणला. फीडे वल्ड cup चॅम्पियनशिपाचे goa च्या सुवाळो श्यामा प्रसाद मुखर्जी स्टेडीयमाचेंर आयज जालो,ह्यावेळार मंत्री मनसुख मांडवीया उलयताले.मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावत हांणी ह्यावेळार म्हणले की गोयाक जागतीक पांवड्यावेले खेळाचे केंद्र करपाची मोख राज्य सरकारान दवरला.fide world chempionship वाटो घेतील्ल्या खेळगड्यांक परबी भेटयतना मुखेलमंत्र्यान बुद्धीबळ हो खेळ आता आनलायन आनी आफलायन लेगीत ह्या खेळाच्या मोग्यामदी फामाद आनी लोकप्रीय जांवक लागला अशे म्हणले.

ह्यावेळार गोंय राज्य खेळा मंत्री रमेश तवडकार , All india chess federation चे अध्यक्ष नितीन नारंग,गोय राज्य खेळा खात्याचे सचीव संतोश सुखदेवा, गोंय खेळा संचालक डाॅ. अजय गावडे तशेंच बुद्धीबळाचे आंतरराश्टीय आनी राश्टीय पांवड्यावेले मानेस्त हाजीर आशील्ले.

फीडे चेस वल्ड चेम्पियनशिप गोंयांत 31 ऑक्टोबर ते 27 नोव्हेंबर ह्या काळात जाता. चेम्पीयनशिपाच्यो सगळयो सर्ती बार्देश ताल्क्यातल्या हडफडे गांवात रियो रिसोर्ट हांग जतल्यो. ह्या चॅम्पियनशिपात 80 देशांतले 206 प्रतिनिधी वाटो घेतले. भारताताले 24 बुध्दीपळ खेळगड्यानी ह्या सर्तीत वाटो घेतला.

Run for unity

भारत देश ह विविधतायेन नटला. भाशा, संस्कृताय वेगळी आसली तरीय आम्हच्या भारतीयाची एकजुट आजुनुय अखंड आसा. अंखंड देश करपाखातीर सरदार वल्लभ भाई पटेल

आनी करुन समृध्द भारत देश साकारला अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. ते सरदार वल्लभ भाई पटेल हांच्या 150 व्या जंयती निमतान आयोजित रन फोर युनिटीच्य कार्यावळीत मुखेल सोयरे म्हण उलयताले. भारताक स्वतंत्र्य मेळळया उपरांत 14 वर्सा उपरांत गोंय मुक्त जाले. मात आयज गोंय सगळया बाबतीन उदरगत जाल्ले राज्य जावपाक मुखार आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

ह्यावेळार मुखेल सचिव वी. कान्दावेलु,राज्यसभेचे खासदरा सदानंद शेट तानावडे, नेहरु युवा केंद्रांचे जिल्हो निमंत्रक कालिदास घाटवळ ,खेळा खात्याचे सचिव संतोश सुखदेव, खेळा संचालक अजय गावडे, तशेचं हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले.

गोंय युवा आनी खेळा प्राधिकारणावतीन आयज सरदार वल्लभ भाऊ पटेल हांच्या 150 व्या जंयती निमतान रन फोर युनिटी ह्या धावपाच्या सर्तीच्या कार्यावलीचे आयोजन पणजे सारात केल्ले. हांतुन 10- 14 वर्सा पिराय, 14 -18 वर्सा पिराय, 18 वर्सा वयर पिराय आशिल्लया गटात तशेंच दिव्यांग व्यक्तींखातीर आनी ज्येश्ठ नागरीकांचो खासा गटाच्या विभागणीत युनिटी फोर रनची कार्यावळ घडोवन हाडील्ली. खेळा प्राधिकारमावतीन गोंयच्या वेगेवगळया वाठारांनी रन फोर युनिटी ह्या कार्यावळीचे आयोजन केल्ले. जाल्यार आयज राश्ट्रीय पावंड्यार लेगीत ह्या कार्यावळीचे आयोजन केले.

Rashmi acrobatic 130

भारताच्या जिमनास्टीक फेडरेशनान (जीएफआय) गोंय खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय आनी गोंयच्या खेळां प्राधिकरणाच्या जोडपालवान 14 वी ॲक्रोबेटिक जिमनास्टीक आशियाई चॅम्पियनशिप 2025 आयोजित केला.31 ऑक्टोबर ते 2 नोव्हेंबर पेड्डेम इनडोर स्टेडियम, करसवाडा, मापुसा हांगा ही सर्त सुरू आसा. ह्या सर्तीचे उक्तिवण आयज मुखूलत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जाले
Byte:Cm

ह्या प्रिमियर आंतरराष्ट्रीय खेळां सर्तींत आशिया खंडांतले उत्कृश्ट कलाकुसर जिमनास्ट एकठांय आयल्यात. भारतांत पयलेच खेपे ॲक्रोबॅटिक जिमनास्टीक आशियाई चॅम्पियनशिप जातली. तीन दिसांच्या खर सर्त, संवसारीक पांवड्यावेल्या कामगिरी आनी संस्कृतीक आदान-प्रदानांतल्यान कलाकुसरीच्या जिमनास्टीकांतली उत्कृश्ट कला दाखोवप हो ह्या चॅम्पियनशिपाचो हेत आसा.जिमनास्टीक फेडरेशन ऑफ इंडिया* चो अध्यक्ष सुधीर मिताल हांणी ह्या का्यक्रमाच्या म्हत्वाचेर आपले विचार सांगून सांगलें, “14व्या ॲक्रोबॅटिक जिमनास्टीक आशियाई चॅम्पियनशिप 2025 ची येजमानकी करप हो भारता खातीर एक अभिमानाची खीण. ही चॅम्पियनशिप जिमनास्टीक प्रतिभेक पोसवण दिवपाची आनी आमच्या खेळगड्यांक जागतीक माचयेर सादरीकरण करपाची चड संद निर्माण करतली.

Book subhash 50

राष्ट्रीय स्वयंसेवक संघाच्या पूर्णवेळ प्रचारकांच्या कार्याची वळख करपी ' पत्थर पायातील ' ह्या पुस्तकाचो प्रकाशन सुवाळो फाल्यां मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या हस्तूकी जातलो. हो सुवाळो फाल्यां म्हळयार 1 नोव्हेंबर दिसा सांजे. 5 वरांचेर पर्वरीच्या विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाच्या प्रांगणात जातलो. मुखेलमत्र्यांसयत केरळचे राज्यपाल राजेंद्र आर्लेकर , मुखेल वक्ते म्हण रा. स्व. संघाचे ज्येष्ठ प्रचारक श्री. रवीन्द्रजी भुसारी हाजीर रावतले.

रोहन खंवटे

पर्यटन मळार बेकायदेशीरपणान वावुरपी दलालांची समस्या सुटावी करपाखातीर गोंयात प्रमाणीत guide जाय. बेकायदेशीर दलालांक पयस दवरचें पर्यटन मळार उद्देजकांनी सहकार्य करचे अशे आवाहन पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी केला.ते पणजे पर्यटन भवनात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले.पर्यटन मळावेल्या बेकायदेशीर दलालांक ना करपा खातीर आमकां प्रमाणीत guide जाय. पर्यटन खाते प्रमाणीत guide खातीर प्रशिक्षण दितात, guide खातीर रितीं पदांय उपलब्ध आसात. प्रमाणीत guide पदां खातीर गोयकारांनी अर्ज करचे अशे आवाहन ह्यावेळार पर्यटन मंत्री रोहन खंवटे हांणी केला.विदेशी पर्यटकांची गोयांत येवपाची संख्या वाडटा अशे मंत्री रोहन खंवटे हांणी म्हणला. तीन म्हयन्यां आदीं पावसाच्या दिसांनी पर्यटकांच्या आंकड्यांत वाड जाल्ली अशे रोहन खंवटे हांणी म्हणला.

Teacher eligibility dip 110

गोंय माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शिक्षण मंडळान शिक्षक पात्रताय परिक्षा 9 आनी 10 डिसेंबर 2025 दिसा सांजेची 3.00 ते 5.30 वरा मजगती घेवपाचे थारायला. ही परिक्षा सीबीटी पद्दतीन उत्तर गोंयांत सेंट झेव्हियर हायर सेकंडरी स्कुल, म्हापशें बार्देस आनी दक्षीण गोंयांत रोझरी हायर सेकंडरी स्कुल, नावेली साश्ट ह्या दोन केंद्राचेर आयोजीत करतले.पयली ते आठवीच्या वर्गात शिकोवपाक शिक्षक म्हूण नेमणूक जावपाक उमेदवार ही परिक्षा पात्र जावपाक जाय. परिक्षे खातीर 1 ते 15 नोव्हेंबर 2025 मेरेन ऑनलायन अर्ज करपाक जाय. उमेदवारान निवड केल्ल्या संबंदीत परिक्षा केंद्राचेर 5 आनी 6 डिसेंबर 2025 दिसा बायोमॅट्रिक नोंदणी आनी प्रशिक्षण आयोजीत करतले. दिव्यांग उमेदवारांक शुल्क फारीक करचे पडचे ना.इत्सुक उमेदवारांनी मंडळाच्या www.gbshse.in चेर वेबसायटीचेर उपलब्ध आशिल्ल्या GTET पोर्टला वयल्यान ऑनलायन अर्ज करपाक जाय. अदीक म्हायती वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा.

10th std

गोंय शालांत मंडळान धावेच्या मार्च २०२६ परिक्षेचे अर्ज स्विकारपाक सुरवात केल्या. २२ ऑक्टोबर सावन अर्ज भरपाक सुरवात जाल्या. १५ नोव्हेंबर २०२५ मेरेन अतिरिक्त शुल्का बगर अर्ज करूंक मेकळीक आसा. हे तारखे उपरांत मात अतिरिक्त शुल्क भरचे पडटले. धावेचे परीक्षेक बसपी खासगी विद्यार्थ्यांक लेगीत ह्योच तारखो लागू आसात. २ मार्च २०२६ सावन गोंय शालांत मंडळाच्या धावेंचे लेखी परीक्षेक सुरवात जातली. २ फेब्रुवारी २०२६ सावन प्रात्यक्षिक परीक्षा सुरवात जाता. गोंयभरातल्या ३२ परीक्षा केंद्रांनी ही परीक्षा जातली. उर्दु माध्यमाची परीक्षा मात मडगांव , पणजी , वाळपय आनी वास्को ह्या चार केंद्रांचेर जातली. सगळ्या शाळा मुखेल्यांनी आपआपल्या शाळांनी परीक्षेविशींची म्हायती दिवंची अशें गोंय शालांत मंडळाचे सचीव विद्यादत्त नाईक हांणी एका परिपत्रका वरवी कळीत केलां.